**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक होळयेची परबीं**

ता. 28 मार्च 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक होळयेची हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयल्यात. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, होळीच्या रंगयाळ्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता.

होळी उत्सवा सावन वसंत ऋतुक सुरवात जाता आनी नवजन्म, पुनर्जिवन आनी नव्या आरंभाविशीं सुचित करता. होळी उत्सव खुशालकाय आनी नवी आस्त घेवन येता. ह्या उत्सवाचे खाशेलपण म्हळ्यार हो उत्सव जात-पात, समाज वा लिंग भेदभाव करीनासतना सामाजाच्या सगळ्या घटकांकडल्यान उमेदीन मनोवपात येता. होळी उत्सव विविधतायेत एकवटाची भावना वाडिक लायता आनी आमच्या देशाची धर्मनिरपेक्षता मजबूत करता.

ह्या वर्सा आमी होळी उत्सव सुरक्षीत तरेन मनोवया आनी हो रंगयाळो उत्सव ह्या वर्सा गोंयच्या लोकांक चड शांतीकाय, भरभराटी आनी उमेद घेवन येव, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/358

Issued by Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji